# सचित्र जीण चरित्र


# मार्टिन ल्युथर किंग (ज्युनियर)

सँडलबॅक, कोंकणी : नमन सावंत धावस्कार



# मार्टिन ल्युथर किंग

# ज्युनियर




सँडलबॅक शिक्षणीक प्रकाशन संस्था

**कोंकणी : नमन सावंत धावस्कार**


मार्टिन ल्युथर किंग ज्युनियर हाका आपल्या बपायचें शेरमांव खूब मानवतालें. तो लोकांक ताठ मानेन देवा वांगडा चलपाक सांगतालो.
एक दीस हांवूय असोच व्हडले व्हडले शब्द वापरतलो.
म्हजें सपन आसा. एक दीस म्हजे चारूय भुरगे तांचे कातीच्या रंगा वयल्यान न्हय तर तांच्या चारित्र्या वयल्यान पारखणी जावपी देशांत रावतलें.
मार्टिन ल्युथर किंग ज्युनियर फुडाराक एक प्रभावी वक्तो म्हण मुखार आयले. तांणे वॉशिंगटन डी.सी.त वीस लाख लोकां मुखार भाशण केलें. कोट्यांनी लोकांनी तांकां टीवीचेर पळयले आनी आयकले.


1. सुरवातीचीं वर्सां
मार्टिन ल्युथर किंगाचो जल्म 15 जानेवारी 1929 दिसा एटलांटा, जॉर्जिया हांगा जालो. ताचो बापूय बाप्तिस्ट चर्चींत पादरी आसलो.
मार्टिन वा “एम.एल”, चडसो वेळ आपल्या भाव-भयणां वांगडा खेळटालो.
भावंडां मदलो एकामेकांवेलो मोग हेंच चड म्हत्वाचें, अशें तांकां आवय बापायन शिकयल्लें.
तूं काम कित्याक करता?
पुस्तकां विकतीं घेवपाक. आमकां मोडपा खातीर पयशे जाय जाल्यार आमी ते जोडपाकूय जाय.
सामक्या ल्हान पिरायेचेर मार्टिनान एटलांटा जर्नल नांवाचें दिसाळें विकपाक सुरू केल्लें.
तुज्या आज्याक एकदा एफ्रो-अमेरिकन भुरग्यां खातीर एक नवी शाळा जाय आसली. पूण एका दिसाळ्यान तांचेर वायट टिका केली. तेन्ना आज्यान त्या दिसाळ्याचेर बहिश्कार घालपाचो उलो लोकांक माल्लो.
अशे तरेन कुटुंबांतल्यानच मार्टिनाक, आपल्या घराब्याचो इतिहास, बायबल, आनी लोकांच्या सामुहीक शक्तीची तांक शिकपाक मेळ्ळी.


मार्टिनाक स वर्सांचे पिरायेरूच रंग-भेदाच्या पक्षपातीपणाचो अणभव आयलो. पूण आवयन ताका समजायले.
तूं हेर लोकां इतलोच बरो आसा, हें सदांच मतींत दवर.
मार्टीन एफ्रो-अमेरिकन आसल्या कारणान ताच्या गोऱ्या इश्टाचे आवयन ताका आपल्या घरा येवपाक बंदी घाली.
मार्टिनाचे आवयन ताका गुलामगिरी बद्दल सांगलें आनी ह्या देशांत गुलामांचें जिवीत सदांच कशें वायट आनी कश्टांचें चल्लां, ताचे विशीं सांगलें.
भुरगेपणांत मार्टिनाचो बापूय आपल्या घरच्यां वांगडा शेतांत काम करतालो.
EBENEZER BAPTIST CHURCH
सोळा वर्सांचेर तो रेल्वे-यार्डांत काम करपाक एटलांटा गेलो. कितलींशींच वर्सां तो दिसाचो कामाक आनी रातीचो शाळेक वतालो. आनी अशे तरेन एक दीस तो पाद्री जालो.
ए भुरग्यां, तुजें लायसन दाखय पळोवया
हांव दादलो आनी हो भुरगो.
तूं फाटल्यान वचून बस.
तूं आमकां सेवा दिवंक शकना जाल्यार आमी तुजे कडल्यान वस्ती विकत घेवपा नात.
मार्टिनाचो बापूय खरें उलोवपाक केन्नाच भिये नासलो.


मार्टिन एके “भौशीक भाशण सर्तींत” वांटेकार जावपाक गेल्लो. बसींत खूब गर्दी आशिल्ल्यान ताका उठपाक लायलो. पूण सुरवेक मार्टिन उठलो ना.
उठ! नाजाल्यार हांव पुलिसांक आपयतलों.
मागीर मार्टिनाक दोन वरां बसींत उबो रावचो पडलो. ताका हो अन्यायसो दिसलो.
पंदरा वर्सांचेर तो मोरहावज कॉलेजींत पावलो.
सतरा वर्सां पिरायेर मार्टिनान आपलें पयलें धर्मीक प्रवचन दिलें. अठरा वर्सां पिरायेर तो सहाय्यक पाद्री जालो. एकोणीस वर्साचेर ताणें कॉलेजींतल्यान डिग्री घेतली.
1948 वर्सा, मार्टिन, पेनसिलवेनियाचे क्रोजर धर्मीक सेमिनरींत शिकपाक गेलो. वर्गांत शंबर विद्यार्थ्यां मदीं फकत स जाण एफ्रो-अमेरिकन आसले.
म्हाका खरेंच दिसना – हांव गोऱ्यांच्या रॅस्टोरण्टांत बसून खाता.
अमरिकेंत, सगळे कडेन एफ्रो-अमेरिकन वचपाक शकनात.


1951त मार्टिनाक क्रोजरांतल्यान पोस्ट-ग्रॅज्युएट डिग्री मेळ्ळी आनी वांगडाच बॉस्टन यूनिवर्सिटीची फॅलोशीप. बॉस्टनांत ताची कोरेट्टा स्कॉट कडेन भेट जाली.
कोरेट्टा स्कॉटच्या बापायन खूब कश्टान एक मोटी भंगसाळ उबी केल्ली.
माफ करात पूण म्हजी भंगसाळ विकपा खातीर ना.
बरें आसा पूण हे तुकां बऱ्याक पडपाक ना.
फुडल्याच आयतारा स्कॉट परिवार चर्चींत आसलो तेन्ना भंगसाळीक उजो लागलो.
मार्टिना सारकेच ल्हान पिरायेर कोरेट्टाकूय काळें आसपाचो त्रास जाल्लो.
आमकां कित्याक चलचें पडटा?
आसू गो, चलता चलतां.. आमी गावया.
उपरांत कोरेट्टा ऑहियोचे, अन्तिओच कॉलेजींत शिकपाक गेलें.
ताच्या सुंदर गायनाचे कलेक लागून ताणें न्यू-इंग्लंड म्युजीक कॉलेजींत शिकपाक स्कॉलरशीप मेळयली.
तूं पांचवी माळी निवळ दवरल्यार, तुका हांव रावपाक कूड आनी सकाळचो नास्तो दितां.
म्हाका संगितांत म्हजो फुडार घडोवपाक जाय.
म्हाका एक सुंदर ताळयाची सोबीत बायल जाय, तूं..
शांत सभावाची कोरेट्टा, मार्टिनाच्या मोगांत पडली. मार्टिनाच्या इत्सांक प्राधान्यक्रम दिवपाक जाय हें ती जाणा आसली.


आतां... आपल्या उज्वल भविश्या खातीर तीन लोकांची, तीन विंगड विंगड सपनां आसलीं.
मार्टिन आनी हांव उत्तरेंत रावतलीं. थंय हांव गावपाक शकतलीं.
कोरेट्टा आनी हांव दक्षिणेंत रावतलीं. थंय म्हजें स्वताची चर्च आसतली.
मार्टिन म्हजे वांगडा एटलांटा हांगा धर्मीक प्रवचन दितलो.
18 जून 1953 दिसा मार्टिन ल्युथर किंग आनी कोरेट्टा स्कॉट हांचें अलाबामा हांगा लग्न जालें.
बॉस्टनांत परतीं येतलीं काय हीं?
हय, कोरेट्टा थंय संगीत अभ्यास करतली आनी मार्टिन आपले डॉक्टरेटाचें काम करतलो.
पंचवीस वर्सां पिरायेचेर मार्टिन, डेक्सटर अवेन्यू चर्चींत, मोंट्गोमेरी हांगा पाद्री जालो.
तुजे कडेन स्वताची चर्च आसा हाचो म्हाका खूब अभिमान.
म्हाका अभिमान दिसतलो जेन्ना तूं हांगा सोलो गातलें.
मोंट्गोमेरींत मार्टिनाची भेट रेवरेंड राल्फ अबेरनथी कडेन जाली.
तूं सामको वेगळो आसा. तुका अभ्यास करपाक आवडटा.
तुमी बरे उमेदी आसात. म्हाका तुमचे इश्टागतीची गरज आसा.

# 2. बसीचेर बहिश्कार


रंग-भेद म्हळयार लोकांचे वाटे घालप. काळया मेंढ्यांक धव्या मेंढ्या पासून कुशीन दवरतात, तशें लोकांक कुशीन दवरप. जेन्ना डॉ. किंग अलाबामा आयले तेन्ना रंग-भेदाचे कडक नेम-कायदे आसले.
हांगा काळया लोकांक येवपाक बंदी आसा.
FOR SALE
काळीं भुरगीं गोऱ्यांचे बागेंत वचपाक शकनात.
मुखारचे गेटीन काळया लोकांक येवपाक मनाय आसा.
काळे लोक, फाटले गेटींतल्यान येवन बाल्कनींत बसताले.
ही शाळा फकत गोऱ्यां खातीर आसा.
हांगा फकत गोऱ्यांकूच जेवण मेळटा. तांचे वांगडा येवपी काळे नोकर रांदचेकुडींत जेवतात.
कांय गोरे लोक काळया लोकांक “जिम-क्रो” म्हणटाले. “जिम-क्रो” नेम पिवपाच्या उदका कडेन, न्हाणीघरा कडेन, बसींनी आदी जाग्यांचेर लागू जाताले. ह्याच नेमां वरवीं कातीचो रंगभेद जिवो दवरिल्लो.


अब्राहेम लिंकन हांणी 1863 वर्सा, गुलाम आतां मुक्त आसात म्हूण जाहीर केल्लें. पूण खरेपणी अफ्रिकनअमेरिकन लोकांक नागरीक म्हण केन्नाच वागणूक मेळूंक ना.
VOTE
खंयच्याय गोऱ्यान तुज्या खातीर सय मारली जाल्यारच तूं मतदाना खातीर नांवनोंदणी करूंक शकतलो. आनी कोणच गोरो तशी सय मारचो ना.
दक्षीण अमेरिकेंत काळ्या लोकांक मतदाना पासून पयस दवरपाक वेगळे स्थानिक नेम केल्ले.
म्हजे कडेन कॉलेजची डिग्री आसा.
ताचो कांय फायदो ना
खंयच्याय अफ्रिकी-अमेरिकनाक बरी नोकरी मेळप कुस्तार आसलें.
तांच्यांनी म्हजी बाजू आयकुनूच घेवंक ना.
कोर्ट सदांच काळ्या लोकांक दोशी थारायता.
हुस्को करूं नाका.
पुलीस आमकां त्रास करचे नात.
आमी मुखार पयशे भरप आनी मागीर फाटले वटेन बसपाक धडपडप, हो आमचे वेलो अन्याय.
खरे तुजे. केन्ना केन्ना तर ड्रायवर पयशे घेता, आमकां भितर घेना, आनी आमच्या तोंडार दार बंद करता.


बसींत फाटले वटेंतल्यान पांच वळीं अफ्रिकी-अमेरिकीनाक बसपाक आसताल्यो पूण फकत गोऱ्यांक बसपाची गरज ना जाल्यारूच.
तुजें सीट ह्या गोऱ्या मनशाक दी आनी तूं फाटल्यान वचून उबी राव.
1 डिसेंबर 1955 दिसा, रोजा पार्क्स दिसभराच्या कासेरा उपरांत मोंट्गोमेरी, अलाबामाचे एके बसींत चडली.
रोजान थंडपणान सीटा वयसल्यान उठपाक न्हयकार दिलो. ड्रायवरान पुलिसांक आपयले.
तूं शाराचो कायदो मोडटाय.
रोजा पार्क्साक पुलीसांनी धरुन व्हेली. आमी सोमारा बसींचेर बहिश्कार घालया. काळे लोक मोंट्गोमेरीचे बसीनी चडचे नात
डॉ. किंग आनी हेरांनी काळ्या लोकांक ह्या बहिश्कारा विशीं कळोवपा खातीर पत्रां बरोवपाची मजत केली. विद्यार्थ्यांनी तीं पत्रां पावयलीं.
म्हजे वावराडेक वाचूंक येयना. तिणें एक पत्र वाचुन घेवपाखातीर हाडलां. तें अस्वस्थ करपी पत्र प्रकाशीत जावप गरजेचें
दिसाळ्यांत तें पत्र छापुन येयलें आनी बसींच्या बहिश्काराची बातमी खूप लोकांमेरेन पावली.
मार्टिन, बेगीन यो. बहिश्कार येसस्वी जालो. बस सामकी रिकामी आसा



5 डिसेंबराक, सोमारा कोणूच काळो व्यक्ती बसींत चडलो ना.
घोड्यार येता?
नाका, दिनवास.
त्या दिसा कायदो मोडलो म्हूण रोजा पार्क्साक दंड भरचो पडलो.
ह्या पक्षपाती वटहुकुमा विरुद्ध हांव अपील करतलीं.
त्याच दिसा एक नवी संघटणा उबी जाली.
आमी स्वताक मोंट्गोमेरी इम्प्रूवमेंट एसोसिएशन (MIA) म्हणटात.
डॉ. किंग हाका ताचो अध्यक्ष वेंचलो. एका वांगड्यान म्हणलें आमी वांगड्यांचीं नावां लिपून दवरुया.
नाका, आमी कोण आनी आमकां कितें जाय तें आमी स्पश्टपणान सांगूंक जाय.
ते राती चर्चींत एक बसका जाली. चर्च अख्खी भरून भायर 4000 लोक उबे आसले.
बसींनी आमकां न्याय जाय. पयली चडटा ताका पयली सीट मेळपाक जाय आनी आतां कांय काळे ड्रायवर तुमी नेमूंक जाय.


हे बसकेंत डॉ. किंग सगळयांत पयलीं अहिंसेचेर उलयले.
आमी चुकीचे पद्धतीचें समर्थन करचे नात. आमी बसीचेर बहिश्कार चालूच दवरतले, पूण शांतीकायेन. येशून आमकां दुस्मानार लेगीत मोग करपाक शिकयला.
पूण थंय हिंसा जाली आऩी डॉ. किंगच्या घराचेर बॉम्ब उडयले. तरीय डॉ. किंग हांणी गर्देक निवळायलो, तांकां भडकयलो ना.
आमी सुरक्षित आसात. उपकार करुन शांतीकायेन घरा वचात.
डॉ. किंग हांकां काम आसलें देखून ते मोंटगोमेरींत रावले.
डॅडी, तूं खूब हुस्को करता.
तुज्या जिवाक धोको आसा. उपकार करून तूं एटलांटांत परत यो.
मजतीक लागून पुराय देशांतल्यान पयशे लागीं जाले. बहिश्कार चालू उरलो. मोंट्गोमेरीच्या वेपाऱ्यांनी तक्रार केली. दिसाळीं, टीवी, नेमाळीं हांकां लागून MIA फामाद जाली. मे म्हयन्यांत न्यूयॉर्क शाराच्या मॅडिसन स्क्वेअरांत मुक्ती मोर्चा काडलो.
तो, एलेअनोर रूजवेल्ट
ते हॉलीवुडांतले हिरो आनी साबार मळा वयले प्रसिद्ध लोक.


काळे लोक एकठांय मेळून कार वापरतात ते बेकायदेशीर आसा अशें मोंट्गोमेरीच्या अधिकाऱ्यांनी सांगपाचो यत्न केलो. नोव्हेंबर 1956त कोर्टांत ताची सुनावणी जाली.
डॉ. किंग ह्या बहिश्कार आंदोलनाचे फुडारी आसले. ताका लागून तांकां कोर्टान वच्चें पडलें. थंय तांकां एक म्हत्वाची बातमी मेळ्ळी.
अमेरिकेच्या सुप्रीम कोर्टान भौशीक येरादारी भितर रंग-भेद करप बेकायदेशीर आसा म्हूण जाहीर केला.
मोंट्गोमेरीच्या काळ्या लोकांनी, हो, सुप्रीम कोर्टाचो आदेश, अधिकृत रित्या अधिकाऱ्यां मेरेन पावपाची वाट पळयली. शाळा चर्चींनी बसींचो वापर शांतीकायेन कसो करप हाचो सराव केलो.
ज्या लोकांच्या हातार धवी पट्टी आसा, ते गोरे.
सदां रेस्पेतान उलयात. बसचे पयलीं सदांच, “उपकार कर” वा “म्हाका माफ कर” अशें म्हण.
थंय बसो नाका!
ना ना! तूं हात उबारूं नाका! थंयच्यान कुशीक सर.
मागीर 12 डिसेंबर 1956क, बसींचेर घातिल्लो बहिश्कार सोंपलो. सुमार वर्सभर हें आंदोलन चल्लें.
गुड-मॉर्निंग, तुमकां येवकार डॉ. किंग.

# 3. धरणें आनी मुक्तीचो प्रवास




* any long journey to a shrine or sacred place


1959त डॉक्टर आपले घरकान्नी वांगडा, महात्मा गांधीच्या देशांत, भारतांत आयले.
दर्यांतल्यान मीठ काडपाक मेळचें म्हूण गांधी शेंकड्यांनी मैल चल्ले. मिठाच्या काळ्या कायद्या विरुद्ध शांतीकायेन केल्लो ताचो तो यशस्वी लढो.
हिंसे बगर तांणी ब्रिटीश सत्ते कडल्यान आपल्या लोकांक मुक्ती दिली.
तांणी प्रधानमंत्री नेहरूंची भेट घेतली
तुमकां गांधी विशीं खूबश्या हिंदू परस चड खबर आसा.
आतां डॉ. किंग एकतीस वर्सांचे जाल्ले. टिका आनी तुस्त हाचे वांगडा ते जियेताले. आख्खो वेळ SCLC चें काम करपा खातीर, ते जानेवारी 1960त आपली चर्च सोडून, एटलांटा परत आयले.
काळो गांधी.
दरेक काळ्या मनशा फाटल्यान धा गोरे आसल्यार आमी हिंसेन जिखपाक शकनात. मोग हेंच आमचें शस्त्र जावपाक शकता.
कम्युनिस्ट !
तो गोरो जावपाक सोदता.
एक क्रांतिकारी!
ताणें आमकां मान वयर काडून जगपाक शिकयलें.
एक म्हान मनीस.


दुसरी मोहीम फेब्रुवारी 1960त सुरू जाली.
नार्थ केरोलिनांत आमी काळया लोकांक जेवपाक दिनात.
तुमकां आमी हांगासल्लें जेवण घेतिल्लें जाय पूण हांगा खाल्लेलें नाका?
चार दिसांनी गोरे विद्यार्थी लेगीत त्या आंदोलनांत देंवले.
आमी काळया लोकांक जेवण दिवपाक शकनात.
तशें जाल्यार आमी सुद्धा ऑर्डर दिनासतना तांचे वांगडा बसतात.
एका पत्रकारान ह्या धरण्या विशीं बरयलें. मागीर पुराय दक्षिणेंत काळे आनी गोरे विद्यार्थी स्थानीक हॉटेलांनी धरणें दिवपाक लागले.
म्हाका तुमची शांतिकायेची पद्धत खूब मानवली. SCLC तुमची मदत करतले.
आमी स्वताक स्टूडंट नॉन-वायलंट कोआर्डिनेशन कमिटी SNCC च्या नांवान पाचारतात.
हांवें काळया मनशां बरोबर बरो वेव्हार केला.
तुमी आमकां विकत घेवपाक दितात पूण हांगा रंग-भेद करतात. आमी हांगा खावचे नात.
SNCC चे कार्यकर्ते अमेरिकेंत एक पुराय पिळगे खातीर रोल-मॉडल जाले.



-मे म्हयन्यात "मुक्ती यात्रा" आयोजीत केली. गोरे आनी काळे लोकां वांगडा बसीन बसून दक्षिणेक गेले. थंय वांगडा रेस्टोरेंटान बसुन जेवले.
पुलिस फकत पळयत उल्ले.
एक चोंबो येता. आमी पळयता तेंका.
अलाबामांत गोऱ्यांनी, प्रवाशांचेर आक्रमण केलो.
मोंट्गोमेरींत डॉ. किंग हाणें कांय लोकांक "मुक्ती-यात्रे" बद्दल सांगले. कांय शस्त्राधारी गोऱ्या लोकांनी चर्चीक रेवाडो घातलो आनी लोकांक भायर सरपाक मनाय केली.
आमी कामयाब जातले.
अटॉर्नी जनरल रोबर्ट कैनेडी हाणीं , अलाबामाच्या गवर्नरांक चर्चीतल्यान भायर येवपी लोकांक, सुरक्षा दिवपाचो आदेश दिलो.
"मुक्ती-यात्री" आपल्या अभियानान यशस्वी जाले. अमेरिका सरकारान म्हणलें बस, ट्रेन आनी विश्रामघरांनी रंग-भेद करप कायद्यान गुन्यांव.
डॉ. किंग हांणी काळ्या लोकांच्या फुडाऱ्यां वांगडा मेळून काम करपाक सांगलें.
आंदोलन!
NAACP
नव्या कायद्या खातीर कोर्ट-कचेरींत वांगडा काम करात.
SNCC
STUDENT
URBAN LEAGUE
FOUNDED IN 1910
CORE
CONGRESS
OF
RACIAL
EQUALITY
-1942-
आफ्रीकी-अमेरिकेक बरें शिक्षण आनी उंचेल्यो नोकऱ्यो.
उंचेल्यो नोकऱ्यो.


4. बरहिंघम मोर्चा
एप्रील 1963त डॉ. किंग हांणी बिर्मिंघम, अलाबामान एक मोर्चा काडलो. दक्षिणेंतल्या ह्या शारांत गोऱ्यांनी काळ्या लोकांचेर खूब अत्याचार केल्ले.
रेवरेंड अबेरनथी आनी हांव, गुड-फ्रायडे दिसा एक मोर्चा काडटले.
तुजी कादयेंत ही तेरावी फावट!
पूण जेन्ना आमी कादयेंत वांगडां आसतात तेन्ना तूं म्हजी चेतना जिती दवरता.
तांकां परवानगे बगर मोर्चा काडलो म्हूण अटक जाली.
पूण हे फावटीं डॉ. किंग हांकां कोठडेंत एकटोच दवरले. ना कोणाचो फोन घेवपाक जातालो, ना कोणाक मेळपाक मेळटालें. कांय प्रोटेस्टंट, कॅथोलिक आनी यहूदींनी, पाद्रींनी दिसाळ्यांत बरयलें, तो मोर्चा “असमंजसपणाचो” आशिल्लो
बरहिंघमनांतल्या काळ्या मनश्यांची वायट परिस्थिती ह्या देवाच्या मनश्यांनी विसरप ही तांची असमंजसपणा हाची हांव तांकां याद करून दितां.
डॉ. किंग हांची “बरहिंघम जेलींतली पत्रां”च्यो प्रती जायत्या फावट परत छापल्यो.


जेली भितर आपल्या घरकाराक कितेंय जायत ह्या हुस्क्यान कोरेट्टा स्कॉट किंग हिणें राष्ट्रपतीक फोन लावपाचो यत्न केलो. उपरांत तिका दोन म्हत्वाचे फोन आयले.
राष्ट्रपतींन तिका फोन करून सांगलें, FBI मार्टिनाची तपासणी करता .
गायक हैरी बेलाफोंते सुद्दा मार्टिनचे बाबतींत हुस्क्यान आशिल्ले. तांणी मदतीक लागून पयशे जमोवपाक सुरवात केली.
मार्टिन सगळो पयसो आंदोलनाक दिता.
डॉ. किंगचे सुटके उपरांत अटर्नी जनरल रोबर्ट कॅनेडीन तांकां दोन फावटीं फोन केलो.
विरोधाची गती कमी करात, डॉ. किंग.
पूण सर, काळे लोक फाटलीं 300 वर्सां फकत वाटूच पळयतात
गवर्नर वेलिस, काळ्या भुरग्यांक लेगीत गोऱ्यांचे शाळेंत दाखलो दियात म्हूण कोर्ट तुमकां फर्मायतलें
केन्नाच ना! म्हज्या मतान रंग-भेद आसपाक जाय.
भुरग्यांक लेगीत बरहिंघमात बऱ्यो सुविधा मेळच्यो म्हणून निशेद मोर्च्यांत भाग घेवंक दिवचो, अशें डॉ. किंग हांणी जेली भितर थारायले.
भुरग्यांच्या एका चोंब्याक गोऱ्यांच्या वाचपघरांत धाडले.
हांची हिम्मत कशी जाली?
FOR WHITES ONLY
तांणी तुमकां शाळेची गेट बंद केली तरीय तुमी दुरीग चडून भितर गेले. म्हाका तुमचो अभिमान दिसता.


सुमार एक हजार भुरगे चर्चींत जमले. भायर पुलिसांचो बंदोबस्त आसलो. भुरगे ल्हान ल्हान चोंबे करून थंयचान भायर सरले, आनी सकयल्या शारांत मेळपाचो निर्णय घेतलो.
आतां ते पुलिसांक मेळप कठीण.
पूण भुरगे मोर्चा काडपाक शारांत पावना फुडें पुलिसांनी तांकां अटक केली.
तुका कितलीं वर्सां?
सात
दुसऱ्या दिसा क्रूर पुलीस कमिशनर “बुल” कोन्नेरच्या आदेशाचें पालन जालें.
भुरगे चर्चींतल्यान भायर सरतना तांचेर फायरमॅनाच्या पायपान उदक मारलें. तांचेर हल्लो करपी कुत्रे सोडले.
आपलीं शस्त्रां घेयात आनी परते घरा वचात. भुरग्यांचेर आनीक अत्याचार करूं नाकात.
“बुल” कोन्नेराक काळ्यां विशीं दुस्वास आसलो.
एक दंगल वाचली.
पळय ते भुरग्यांक कितें करतात तें.
देवा पाव रे सायबा! हें सगळें अमेरिकेंत चल्लां?
पुराय अमेरिकेच्या लोकांक हें पळोवन आश्चर्याचो धक्को बसलो.



काळया लोकांनी गोऱ्यांच्या एकवीस चर्चींनी वचून प्रार्थना करपाचो यत्न केलो.
आमी सुद्दा क्रिश्चनूच.
हांगा फकत गोरेच प्रार्थना करपाक शकतात.
फकत चार चर्चींनी काळया लोकांक भितर घेतले.
जेन्ना पुलिसांनी उदक उडोवपाक पायप धरलें तेन्ना रेवरेंड बिल्लुपान काळयांक दिमी मारून प्रार्थना करपाक सांगलें.
उदक मारात!
पूण फायरमॅन उदक सोडपाक राजी नासले, पुलीस सुद्धा कुत्रे सोडपाक तयार जाले ना.
प्रॅजिडेंट केनडी हांच्या मंत्रिमंडळान बरहिंघम वेपाऱ्यांक शांती कायम दवरपाचें आवाहन केलें.
शारा वांगडा आमी एक करार केला. आतां रंगभेद ना. काळया लोकां खातीर आतां चड आनी बऱ्या नोकऱ्यो मेळटल्यो.
11 जून 1963 दिसा, प्रॅजिडेंट जॉन एॅफ. केनडी टीवीचेर येवन तांणी अमेरिकी लोकां वांगडा नागरिकाच्या अधिकारां विशीं चर्चा केली.
प्रत्येक नागरिकांक समान अधिकार मेळ मेरेन आमचो देश पुरायपणान स्वतंत्र जावचो ना.


5. म्हजें एक सपन आसा
बरहिंघमांतल्यान प्रेरणा घेवन अमेरिकेच्या हेर 800 शारांनी, तशेंच मोर्चा काडले.
वोट का अधिकार दो!
VOTE
We are United States CITIZENS WE WANT TO VOTE
VOTE
LET US VOTE
VOTE!
ए. फिलिप रॅन्डोल्फ – हातगाड्याकार आनी कुलींचे फुडारी आसले. तांणी अश्वेत फुडाऱ्यांची एक बसका आपयली.
हांव वॉशिंगटनांत एक शांती-यात्रा पळोवपाक सोदतां. त्या निमतान काँग्रेसीक, काळया लोकांची एकता कळटली.
वॉशिंगटनातली शांती-यात्रा 28 ऑगस्ट 1963 दिसा, आयोजीत केली. पुराय अमेरिकेंतले अडेच लाख लोक तातूंत वांटेकार जाल्ले. चडशे गोरे लोकय आसले आसले.
तो एक म्हान आनी खोशयेचो सुवाळो आसलो. तातूंतलें रेवरेंड मार्टिन ल्युथर किंग ज्युनियर हांचे निमणें भाशण तर सासणा खातीर लोकांचे मतींत उरपा सारकें.
एक दीस, जॉर्जियाच्या तांबड्या दोंगुल्ल्यांचेर गुलामांची आनी पात्रांवांचीं भुरगीं भावकीच्या एका मेजार वांगडा बसतलीं, अशें म्हजें सपन आसा.


तशी थोडी प्रगती जालीयबी. कांय हॉटेलांनी रंग-भेद करप बंद जाले. कांय आफ्रिकन-अमेरिकी लोकांक बऱ्यो नोकऱ्यो मेळळयो. पूण खूप रक्तखेवूय जालो.
सप्टेंबरांत बरहिंघमचे एके अश्वेतांचे चर्चीर बॉम्ब उडयलो. तातूंत चार अश्वेत भुरगीं मेलीं.
22 नोव्हेंबर 1963 दिसा, प्रॅजिडेंट केनडी हांची हत्या जाली.
हांव लेगीत असोच मरतलों.
टायम पत्रिकेन जानेवारी 1964 सालांत, डॉ. किंग हांकां "मैन और द इयर" म्हूण घोशीत केले.
ही मुक्ती झुजाक खरीं आर्गां.
जुलय 1964 वर्सा, दक्षिणेक रावपी प्रॅजिडेंट लिनडन बी. जॉनसन हांणी अमेरिकी काँग्रेसीचेर दबाव हाडून सिविल रायट्स बिल (नागरीक हक्क कायदो) पास करून घेतलो.
हें पेन डॉ. किंग हांकां फावो जाता.
ऑक्टोबर 1964 सालांत, नॉर्वेचे नोबल कमिटीन, डॉ. किंग हांकां शांती खातीरचो नोबल पुरस्कार जाहीर केलो.
डॉ. किंग आनी तांचीं घरचीं नोर्वे गेलीं. फकत पस्तीस वर्सां पिरायेचेर हो पुरस्कार मेळोवपी, डॉ. किंग सगळयांत ल्हान व्यक्ती आशिल्ले.
आतां किंग फामील, अमेरिकेच्या आनी जगाच्या इतिहासांत अमर जालीं.


सेल्मा, अलाबामाचो शेरिफ जिम क्लार्क आजुनूय काळ्या लोकांक वेगळ्या "कलर-टावन" शारांत दवरपाक सोदतालो.
आमी मता खातीर नोंदणी करपाक आयल्यात.
खंयच्यान आयल्यात थंय परत चलात.
काळ्या लोकांक मतदानाचो हक्क मेळचो म्हूण डॉ. किंग हांणी सेल्मा ते मोंट्गोमेरी मेरेन, पांच दिसांचो मोर्चा काडलो.
आमचे वांगडा वीस हजार लोक आसात.
तातूंत कितलेशेच प्रसीद्ध काळे आनी गोरे लोक आसात.
मतदानाचो अधिकार दिवपी कायदो पास करपाचें आवाहन प्रॅजिडंट जॉनसन हांणी काँग्रेसीक केलें.
आफ्रिकी-अमेरिकी लोकांक आमी न्याय दिवपाक जाय. देशांतल्या सगळ्या नागरिकांक मत दिवपाचो अधिकार आसपाक जाय.
डॉ. किंग हांणी भाशण दिलें, आनी गवर्नर वेलेस तें आयकतले, अशी आशा केली.
गोऱ्या मनशान आमचेर दांडो उबारलो जाल्यार तो टीवीच्या उजवाडांत पर्जळटलो हाची जतनाय आमी घेवया.
1965 सालांत प्रॅजिडेंट जॉनसन हांणी वोटिंग रायट्स एक्ट चेर सय केली.
आयज मुक्तीचो आनी खोशयेचो दीस.
आतां सगळ्या प्रौढ अश्वेतांक मत दिवपाक मेळटलें. खंयचेंच राज्य हातूंत आडखळ हाडपाक शकचें ना.


1966 सालांत डॉ. किंग शिकागो गेले. थंय काळे लोक खूब वायट परिस्थितींत रावतात हें तांकां दिसलें.
घराचें भाडें खूब आसा.
हुंदीर ल्हान भुरग्यांच्या आंगार धांवन वतात.
मेयर डली, हुशार राजकारणी आसले.
म्हाका हांगा कसलोच दंगो बोवाळ जाल्लो नाका. काळे लोकांक जाय थंय घर घेवन रावपाक शकतले, असो हांव कायदो पास करतां.
जरी डॉ. किंग नागरीक हक्कांक लागून आपलो पुराय वेळ समर्पीत करताले तरी कितलेशेच काळे लोक अधीर आसलो.
परत गिमाच्या दिसांनी दंगल आनी लुटपाट जाली.
डॉ. किंग वियेतनाम झुजा आड उलयले, देखून प्रॅजिडंट जॉनसनाक तांचो राग आयलो.
नागरीक हक्क आनी शांती आंदोलन वांगडा वचपाक शकनात, अशें खूब फुडाऱ्यांक दिसता.
हांव वियेतनाम झुजा आड आसां. म्हाका उलोवचेच पडटले.
काळ्या लोकांचे परिस्थितींत काँग्रेस कांयच सुदारणा करिना.
आमी गरिबी निवारणा खातीर वॉशिंगटनांत एक मोर्चा काडुया. आनी अमेरिकी आदिवासी, प्युरटो रिकन, मेक्सिकन आनी गरीब गोऱ्याक मदतीक आफोवया.
डॉ. किंग ह्या मोर्चाचें नियोजन करताले, तेन्नाच तांकां मेम्फिस, टेनेसी वच्चें पडलें.


एकोणचाळीसावे पिरायेचेर डॉ. किंग थकिल्ले. ते दर म्हयन्याक धा हजार मैल चलताले, भाशण दिताले, मोर्चे, निदर्शनांचें नियोजन करताले. पूण ते सदांच हिंसेच्या विरोधांत रावले.
एक दीस मेम्फिसांत उटंगाराचो पावस पडलो. कोयर काडपी कामगारांक त्रास जाले. फकत गोऱ्या कामगारांक कामार दवरून पगार दिलो.
काळ्या लोकां खातीर हें शार बरें ना.
बरोबर आसा! हांवूय येतां तुमचे वांगडा विरोध करपाक!
4 एप्रील 1968 दिसा, डॉ. किंग हांची, जेम्स अर्ल रे हाणें गुळी घालून हत्या केली.
तुमच्या बापायची हत्या जाली तरी तांचे विचार सदांच जिवे उरतले, अशें कोरेट्टा स्कॉट किंगान आपल्या भुरग्यांक सांगलें.
पुराय देशान आनी संवसारान डॉ. किंग हांचे हत्येचेर दुख्ख परगटायलें. सुमार दोन लाख लोकांनी एक विशाल जुलूस काडून मुक्ती गीत *“वी शाल ओव्हरकम”* गायलें.
डॉ. किंग हांणी अखेरचो विसव घेतिल्ल्या जाग्यार एक पोरण्या गुलाम गिताचे शब्द अंकीत केल्यात:
*“एकदाचो मुक्त हांव, एकदाचो मुक्त हांव. देवाचे उपकार एकदाचो मुक्त हांव.”*
स्थीरपणान आनी ठामपणान डॉ. मार्टिन ल्युथर किंग आपल्या लोकांक मुक्तीच्या राजपथार घेवन गेले. अमेरिकी लोकांचे दोळे आनी अंतस्करणां उकतीं केलीं. पुराय संवसारा कडेन आपलें सपन वांटून घेतलें.
शेवट